# <u>केपे हांगा तालुका पांवड्याचेर स्वातंत्र्य दीस मनयलो</u>

ता. 15 ऑगस्ट 2024

केपे तालुक्यातल्या बोरीमळ हांगाच्या खेळां प्रकल्पात आयज आयोजीत 78 व्या स्वातंत्र्य दीस सुवाळ्यात समाज कल्याण मंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय हांणी राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन मानवंदना दिली आनी उपस्थितांक उद्देशून भाशण केले.

ह्या वेळार उलयतना श्री. फळदेसाय हांणी भारत हो जगातलो सगळ्यात व्हड लोकशाय देश आशिल्ल्याचे सांगून भारत देशाची 65 टक्के लोकसंख्या 35 वर्सां सकयली आसा आनी त्या खातीर आमी भारत देशाक युवा देश म्हणटात, अशें सांगलें. आयज देशाची लोकशाय परंपरा सांबाळपाची जबाबदारी ह्या युवा शक्तीच्या खांदार आसा. आमच्या युवा शक्तिलागी सामर्थ्य, गुणवत्ता, कुशळटाय आनी ज्ञान आसून देशाक जगातली महाशक्ती करपाक ताचो उपेग करपाची गरज आसा, अशें तांणी सांगलें.

लोकांक स्वातंत्र्य दिसाची परबीं भेटोवन श्री. फळदेसाय हांणी ह्या म्हान देशाचे नागरीक म्हूण आमकां अभिमान आसून प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी " हर घर तिरंगा" चो नारो दिवन आमचो अभिमान आनी आमच्या मदली देशभक्तिची भावना वाडयल्या, अशें म्हणलें.

श्री. फळदेसाय हांणी प्रत्येकान देश आनी गोंय राज्याच्या उदरगती खातीर योगदान दिवपाचो उलो मारून स्वातंत्र्याच्या शतकामेरेन भारत हो संवसारातलो प्रगतीशील देश आसतलो, अशें तांणी म्हणलें. भारत हो पुरातन देश आसून देशाक दीर्घ इतिहास आनी व्हड परंपरा लाभिल्ली आसा, अशेंय तांणी म्हणलें.

सुवाळ्याच्या थळार उपजिल्होधिकारी श्री मनोहर कारेकर आनी पुलीस उपअधिक्षक श्री. निलेश राणे हांणी मंत्र्याक येवकार दिलो.

ह्या वेळार शाळांच्या भुरग्यांनी देशभक्तिगीतां आनी रंगयाळो सांस्कृतीक कार्यक्रम सादर केलो.

सुवाळ्याक आदले मंत्री श्री. डॉम्निक फर्नांडिस, मामलेदार श्री. नेथन आफोन्सो, , हेर अधिकारी, नागरीक आनी विद्यार्थी हजर आशिल्ले.

श्री. विजयकुमार कोपरे हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/414

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan, Panaji – Goa.